राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  ०४.०४.२०२६  @ ६.३० pm

चंचल 80.

म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाचे सचीव चंचल कुमार हांणी भारतीय फिल्म आनी दूरचित्रवाणी संस्था आनी भारतीय राष्ट्रीय चित्रपट विकास म्हामंडळा खाला वावुरपी संस्थांक भेट दिली, तातूंत नॅशनल फिल्म आर्काइव्ह ऑफ इंडिया आसपावता. ह्या भेटी वेळार तांणी भारतीय फिल्म आनी दूरचित्रवाणी संस्थांतले नव्यान विकसीत केल्ली  चित्रपटगृह, संपादन सुविधा आनी चित्रपट निर्मिती स्टुडिओ हांची पळोवणी केली. चित्रपट निर्मितींत आनी संपादनांत वापरिल्ल्या आधुनीक तंत्रगिन्यानाचो आनी संस्थेंत दिवपी चित्रपट शिक्षणाचो ताणी नियाळ घेतलो. उपरांत तानी भारताच्या राष्ट्रीय चित्रपट अभिलेखागाराक भेट दिवन राष्ट्रीय चित्रपट दायज अभियानांतर्गत सुरू आशिल्ल्या डिजिटायझेशन  प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो.

जयशंकर  150

सध्याची जागतिक अस्थिरता फक्त परिस्थितीजन्य नसून, ती संरचनात्मक स्वरूपाचीय आसा, कारण जागतिक व्यवस्थेत महत्त्वपूर्ण परिवर्तन जाता आनी  राष्ट्रांच्या सापेक्ष शक्ती आणि प्रभावामदी स्पष्ट बदल दिसून येता अशे आयआयएम रायपूरच्या १५ व्या दीक्षांत समारंभात उलयताना परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणले. त्यांनी नमूद केले की, काय समाजांमधले राजकीय व्यवस्थांक या विकसित जात आशिल्या बदलांकडे जुळोवन घेवप कठीण वता. मंत्र्यांनी अधोरेखित केले की, तंत्रज्ञान, ऊर्जा, लष्करी क्षमता, संपर्क व्यवस्था आणि संसाधनां हातल्या जलद प्रगतीन वाढत्या स्पर्धात्मक जागतिक वातावरणात अधिक जोखीम पत्करपाक हातभार लायला. Byte

डॉ. जयशंकर हाणी मुखार म्हळे की जग अधिक अस्थिर आणि अनिश्चित वातावरणात स्वतः क सुरक्षित दवरपाच्या  आव्हानाचो फुडो करता. त्यांनी भर दिवन सांगले की  अशा परिस्थितीत, राष्ट्र आणि व्यवसाय या दोघांमदीय जोखीम कमी करप, कामकाजाची जोखीम कमी करप आणि आपल्या कार्यांमदी विविधता हाडपाची प्रवृत्ती वाडटा. व्यावसायिक निर्णयांच्या क्षेत्रात आसू  वा परराष्ट्र धोरणाच्या अंमलबजावणीत आसू,  हे

दृष्टिकोन आवश्यक जातात.आमचे विदेश धोरण भारतीय उत्पादन बाजारात हाडपाचेर लक्ष केंद्रित करता हाचे विशी ताणी सांगले

पेट्रोल 230

पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां की, देशभरांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजी उपलब्ध आसचे हे खातीर सरकार सगळे यत्न करता. पेट्रोल आनी डिझेलाची भियेवन खरेदी करप, तशेंच एलपीजीची गरजे भायर बुकींग करप टाळपाचो सल्लो मंत्रालयान दिला. पेट्रोलियम उत्पादनां आनी एलपीजीची अखंड उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर मंत्रालय सक्रिय पावलां उबारल्यांत अशें तातूंत सांगलां. पांच किलो सिलिंडर लागींच्या एलपीजी वितरण केंद्रांनी मेळटात आनी खंयचोय वैध आयडी पुरावो दाखोवन विकतें घेवंक मेळटात. पांच किलो सिलिंडर घेवपा खातीर पत्त्याच्या पुराव्याची गरज ना अशेंय मंत्रालयान स्पश्ट केलां. फाटल्या म्हयन्याच्या 23 तारखे सावन सुमार पाच किलोग्राम वजनाचे सुमार 5 लाख 70 हजार सिलिंडर विकल्यात अशीय म्हायती मंत्रालयान दिल्या. ऑनलायन एलपीजी सिलिंडर बुकींग करपाचें प्रमाण 95 टक्क्यां मेरेन वाडलां, आनी काल सुमार 51 लाख घरगुती एलपीजी सिलिंडर घरांनी पावयल्यात अशें मंत्रालयान सांगलां. तशेंच पीएनजी, इंडक्शन आनी इलेक्ट्रीक कुकटॉप सारकिले पर्यायी इंधन वापरपाक मंत्रालयान नागरिकांक प्रोत्साहन दिलां. फाटल्या म्हयन्या सावन 3.5 लाखां वयर पीएनजी जोडणी सक्रिय जाल्यात आनी 3.8 लाखां वयर गिरायकांनी नव्या जोडणी खातीर नोंदणी केल्या. सगले तेल शुध्दीकरण कारखाने पुराय क्षमतेन काम करतात आनी तांचे कडेन फावो तो कच्च्या तेलाचे सांठे आसात अशें मंत्रालयान सांगलां. बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालय दर्या वेपाराची खात्री करतना जहाजांची हालचाल, बंदर वेव्हार आनी भारतीय दर्यावेल्यांच्या सुरक्षेचेर सतत नदर दवरता. काल एलपीजी वाहक ‘ग्रीन सानवी’ होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्यान सुरक्षीतपणान गेल्ल्याची म्हायती मंत्रालयान दिल्या. ह्या तारवांत 46,650 मेट्रीक टन एलपीजी साठो आनी 25 खलाशी आशिल्ले. सद्या अस्तंत इराणी आखाताच्या वाठारांत भारतीय ध्वजाचीं १७ तारवां चलतात आनी तातूंत ४६० भारतीय खलाशी कार्यरत आसात.

बँकॉकांत जाल्ले वर्ल्ड आर्चरी पॅरा सिरिजांत भारतीय तिरंदाज श्याम सुंदर स्वामीन दादल्यांच्या वैयक्तीक कंपाउंड सर्तीत कांस्य पदक जिखलें. स्वामी आनी ताचो वांगडी भारतीय तिरंदाज  राकेश कुमार 143 गूणांनी बरोबरीत आशिल्ले, पूण स्वामी हांणी टाय ब्रेकांत राकेशाक हारयलो.

भारतीय  हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, केरळ आनी माहे हांगा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. उत्तर भारतांतल्या जायत्या राज्यांनी तशेंच उत्तर प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगडांत गडगड आनी गारांची वादळाचो अदमास खात्यान उक्तायल्या.